# **प्रधानमंत्री गोंय मुक्ती दीस सुवाळ्याक हजर रावतले**

ता. 15 डिसेंबर 2021

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी ता.19 डिसेंबर 2021 दिसा ताळगांव पठारावयल्या डॉ. श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडियमात जावपी गोंय मुक्तीच्या 60 व्या वर्स सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले.

प्रधानमंत्री आपल्या गोंय भेटीत नुतनीकरण केल्ल्या आग्वाद किल्ल्याच्या कामाचे, गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या सुपर स्पेशलीटी ब्लॉकाचे, दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटलाचे, मोपा विमानतळार विमान उड्डाण कुशळटाय विकास केंद्र आनी दवर्ली नावेली हांगाच्या गॅस इन्सुलेटेड उपकेंद्राचें व्हर्च्युअल पद्दतीन उक्तावण करतले.

तशेंच प्रधानमंत्री कायदो शिक्षण आनी संशोधन विद्यापिठाचोय  व्हर्च्युअल पद्दतीन बुन्यादी फातर बसयतले. प्रधानमंत्र्या हस्तुकीं स्वातंत्र्य सैनिक आनी ऑपरेशन विजय मोहिमेतल्या सैनिकांचो सत्कार करपात येतलो.

तशेंच आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय मोहिमेचे उत्कृश्ट काम केल्ल्यो पंचायती/नगरपालिका, स्वयंपूर्ण मित्र आनी लावधारकांक पुरस्कांर भेटयतले आनी आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय पुस्तीकेचे प्रकाशन करतले.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत गोंय मुक्तिच्या 60 व्या वर्सानिमतान प्रधानमंत्र्याक मेघदूत पोस्ट कार्ड भेटयतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1051

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji